<u>फिफा वर्ल्ड कपाखातीर सुकाणू समिती</u>

ता. 3 एप्रिल 2017
13 चैत्र 1938

सरकारान फिफा अंडर-17 वर्ल्ड कप भारत 2017 सर्तींच्या यशस्वी आयोजनाक सरकारावतीन जायते सहकार्य आनी मदत करपाखातीर मुख्य सचिवाच्या अध्यक्षतेखाला उच्चस्थरीय सुकाणू समिती गठीत केल्या.

खेळां खात्याचे सचिव, गोंय खेळां प्राधिकरणाचे कार्यकारी संचालक, शिष्टाचार सचिव वा तांचे प्रतिनिधी, पुलीस महासंचालक, उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी, शिक्षण संचालक, उच्च शिक्षण संचालक, प्रधान मुख्य अभियंते, अग्निशमन सेवा संचालक, भलायकी सेवा संचालक, म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालक, गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक, पर्यटन संचालक, नगरपालिका प्रशासन संचालक, पंचायत संचालक, येरादारी संचालक, कदंब येरादारी महामंडळ वेवस्थापकीय संचालक, गोंय विमानतळ संचालक, अतिरिक्त वित्त सचिव, म्हायती तंत्रज्ञान संचालक आनी एनआयसी म्हायती अधिकारी हे समितीचे वांगडी आसात.